**राज्यपालाकडल्यान  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 18 डिसेंबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. 1961 वर्सा ह्या कीर्तवंत दिसा गोंय पोर्तुगीज सत्तेच्या बंधनातल्यान मुक्त जाले. हो दीस संस्मरणीय आसा, कारण गोंय मुक्तीच्या दिसान भारताचे स्वातंत्र्य पुर्ण जाले. गोंय मुक्तीचो दीस मनोवपाच्या ह्या इतिहासीक सुवाळ्याक वाटेकार जावपाक म्हाका अभिमान जाता.

1510 ते 1961 मेरेन म्हणजे 450 वर्सां गोंय पोर्तुगीजांच्या परकीय सत्तेखाला उरले. जशें आमकां सगळ्यांक खबर आसा, की भारताक 15 ऑगस्ट 1947 वर्सा आपले स्वातंत्र्य मेळ्ळें, पुण भारतीय उपखंडाचो भाग आसून लेगीत गोंय पोर्तुगीजांच्या नियंत्रणाखाला उरले. 1961 वर्सा ह्या इतिहासीक दिसा भारतीय सैन्य दळान आपल्या धाडसान गोंयांक 450 वर्सांच्या पोर्तुगीजांच्या परकीय सत्तेतल्यान मुक्त केले आनी गोंय भारताचो अंतर्गत भाग जालो. स्वतंत्रतायेचो प्रवास दीर्ग आनी कठीण आशिल्लो. मुक्ती चळवळीत गोंयांतल्या आनी भारताच्या हेर वांठारांतल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक अनेक कश्ट भोगचे पडले आनी त्याग करचो पडलो. ह्या इतिहासीक प्रसंगार धाडसी आनी पराक्रमी सैनिकांक तशेंच धीट आनी निसुवार्थ स्वातंत्र्य सैनिकांक आमी नमन करप योग्य आसा. तशेंच गोंय मुक्ती खातीर आपल्या मोलादीक जीणेचो त्याग केल्ल्या त्या म्हान आत्म्यांक आमी आर्गां ओपूया.

गोंयांक एक खाशेली वळख आसा जी गोंयच्या लोकांनी मुक्ती उपरांच्या काळांत अनेक आव्हांनांक तोंड दिवन सांबाळून दवरिल्ली आसा. 1967 च्या जनमत कौलातल्यान गोंयची ही खास वळख सिध्द जाल्या. 1987 वर्सा मेळिल्लो घटकराज्याचो दर्जो गोंयचो खाशेलो वारसो सांबाळून दवरपाच्या प्रवासातली म्हत्वाची घडणूक जावन आसा. कोंकणीचो भारतीय घटनेच्या 8 व्या परिशिश्टांत जाल्ल्या आस्पावान राज्याची अस्मिताय आनीक घटमूट जाली. ही खाशेली वळख सांबाळून दवरपा खातीर कठीण संघर्श केल्ल्या गोंयचे सगळें फुडारी आनी लोकांचे हांव अभिनंदन करता.

पर्यटन हे गोंयच्या अर्थ वेवस्थेत भर घावपी एक म्हत्वाचे क्षेत्र. गोंय हे एक बरे पर्यटन स्थळ म्हूण संवसारभर फामाद आसा. गोंय हे सैमान भरिल्ले राज्य आसा. तशेंच गोंय राज्याक समृध्द संस्कृती आनी वारसो लाभिल्लो आसा. त्याच बरोबर गोंयचे लोक इश्टागत आनी शांतीकायेन रावपी. गोंयांत विंगड विंगड समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. आनी अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला.

सध्या गोंय हे आधुनिक आनी नेटान फुडें वाटचाल करपी राज्य आसा. राष्ट्रीय लोकसंख्या आयोगाच्या अहवाला प्रमाण जीणेच्या दर्जा संबंदीत 12 मुखेल दर्शकांनी गोंय देशांतली राज्यां आनी संघप्रदेशांमदी उचेल्या क्रमाकाचेर आसा. शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधां आनी गुंतवणुकीच्या बाबतीत देशांतल्या सगळ्या राज्यांमदी गोंय उत्कृश्ट क्रमाकाचे राज्य जावन आसा. साक्षरताय आनी भुरग्यांचे मरण प्रमाण अशा सामाजीक दर्शकां बाबतीत गोंय देशांतल्या पयल्या तीन राज्यांमदी वयल्या पांवड्यार आसा. साधनसुविधांच्या बाबतीत अकराव्या वित्त आयोगान गोंयांक उत्कृश्ट राज्य म्हूण जाहिर केला.

पुण चड म्हत्वाचे म्हळ्यार, गोंय हे विशिश्ट्य बहुसांस्कृतीक वारसो लाभिल्ले राज्य जावन आसा. गोंयचे लोक बऱ्या मनाकाळजाचे, शांत, मोगाळ आनी इश्टागत करपी स्वभावाचे आसात. गोंयांत विंगड विंगड समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. आनी अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला. गोंय आकारान देशांतले एक ल्हान राज्य आसले तरी देशांतले अदीक दरडोई येणावळ आशिल्ले राज्य आसा. अशें तरेन गोंय भरभराटीचे राज्य जावन आसा. देशांत गोंयच्या आर्थिक उदरगतीचे प्रमाण अदीक आसा. गोंय राज्य रस्ते, रेल्वे, दर्या मार्ग तशेंच विमान येरादारी वरवीं मुखेल शारां आनी वेपार तशेंच वाणिज्य केंद्रांक जोडिल्लें आसा.

सध्याचे राज्य सरकार रस्ते, रेल्वे, विमानतळ, पूल अशों साधनसुविधां उपलब्ध करून गोंयची प्रगती आनी विकासा खातीर तोखणायेचो वावर करता. ह्या वर्सा मोपाच्या मनोहर पर्रीकर विमानतळाक उत्कृश्ट डॉमेस्टिक विमानतळ म्हूण पुरस्कार फावो जाला.

खेळ आनी पर्यटना खेरीज हालीच्या वर्सांनी गोंयांक देशभर आनीक एक वळख मेळ्ळ्या. राज्य सरकार गोंयांक एक मुखेल शिक्षणीक केंद्र म्हूण फुडें व्हरता. हांगाच्यो अनेक संस्थां देशभरांतल्या

विद्यार्थ्यांची सपनां पुराय करता. हांलीच प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी गोंयांत राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्थेच्या कायम कॅम्पसाचे उक्तावण करून राज्याच्या शिक्षणीक साधनसुविधांच्या विकासात भर घातल्या.

राज्य सरकारान स्वयंपूर्ण मित्रांच्या आदारान "प्रधानमंत्री विश्वकर्मा" ह्या केंद्र सरकारच्या म्हत्वकांक्षी येवजणेची नेटान अंमलबजावणी केल्या. स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमा खालाच्या प्रयत्नांतल्यान 18 विंगड विंगड पारंपरीक वेवसायाखाला सुमार 33,000 श्रमजीवींची नोंदणी जाल्या. ह्या श्रमजीवीं खातीर प्रशिक्षण सुरू करपी गोंय हे पयले राज्य जावन आसा.

उत्कृश्ट सेवा आनी प्रशासनातल्यान गोंय हे स्वयंपूर्ण, आत्मनिर्भर राज्य करपाच्या उद्देशान गोंय सरकारान भारत सरकारच्या आत्मनिर्भर भारत-गरीब कल्याण कार्यक्रमाच्या धर्तेर "स्वयंपूर्ण गोंय" अभियान सुरू केला. गांवांची उदरगत करून ग्रामीण अर्थ वेवस्था सुदारप हो ह्या कार्यक्रमाचो एकमेव उद्देश आसा. प्रत्येक गोंयकाराच्या जीणेत परिवर्तन हाडून गोंय आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय तत्वाचेर काम करता. सरकारच्यो येवजणो/सेवा प्रत्येक नागरिका मेरेन पावोवपा खातीर थळाव्यो संस्था, सरकारी विभाग आनी स्वयंपूर्ण मित्रांच्या सहकार्यान विशेश उपक्रम राबोवपात येता.

मानादीक मुखेलमंत्र्याच्या कुशळ फुडारपणाखाला राज्यान "गोंय मुख्यमंत्री अप्रेंटिसशीप धोरण" ची अंमलबजावणी केल्या. ह्या धोरणाखाला एसएससी, एचएसएससी, पदवीधर, आयटीआय उत्तीर्ण युवकांक अप्रेंटिसशीप प्रशिक्षण येवजणे खाला नोंदणी करून सरकारी विभागांनी एक वर्स काम करपाचो अणभव आनी मासीक विद्यावेतनाचो लाव घेवपाची संद दिल्या.

मानादीक मुखेलमंत्री "विकसीत भारत 2047" संकल्पना नदरेमुखार दवरून स्वयंपूर्ण गोंय आनी विकसीत गोंयाखातीर नारी शक्ती, युवा शक्ती, किसान शक्ती आनी गरीब कल्याण अशा कल्याणकारी येवजणांचेर भर दिता.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार म्हाका सांगपाक खोस जाता, राजभवनाच्या वाठारांत वामन वृक्ष कला उद्यान – बोन्साय उद्यान विकसीत केला. ह्या उद्यानात 222 जातींची 1008 बोन्साय झाडां लायिल्ली आसात. राजभवनाच्या तीन लॉनांनी वामन वृक्ष कला उद्यानाचो विस्तार जाल्लो आसा. सरकारी सुवातेत उबारिल्ले हे सगळ्यात व्हड वामन वृक्ष उद्यान आसा. राजभवनान प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या 74 व्या वाडदिसा राजभवन वाटारांतल्या शेकड्यांनी वर्सांच्या झाडांचो सांबाळ करपाचो उपक्रम सुरू केला.

राजभवनान वामन वृक्ष कला उद्यानात भारतीय आयुर्वेदाचे जनक आचार्य चरक आनी शस्त्रक्रिया क्षेत्रांतले जनक आचार्य सुश्रुत ह्या दोगांचो पुतळो उबारून तांका श्रदांजली ओपपाचो निर्णय घेतला. प्राचीन भारतीय वैजकीशास्त्रातले जनक आचार्य चरक आनी आचार्य सुश्रुत हांणी चरक संहिता आनी सुश्रुत संहिता बरयिल्ली आसून ही संहिता सुत्र, निदान, विमना, सरिरा, इंद्रीया, चिकित्सा, कल्प आनी सिध्दा अशा आठ भागांनी विभागलेली आसा. चरक हे आयुर्वेदाचे जनक आशिल्लें. तांणी शरीरशास्त्र, आहार आनी मेटाबोलिजमचो अभ्यास करून आयुर्वेद वैजकी क्षेत्राक म्हत्वाचे योगदान दिला. चरक संहितेची खोलाय आनी आवाठ खुप व्हड आसून अशें म्हणटात, की 'जे किल्ये हांगा ना ते खंयच मेळचे ना' आयुर्वेदाचे जनक आशिल्लें चरक हांका पुरातन भारताच्या वैजकी वारशाचे श्रेय फावो जाता.

आमच्या देशान नव्या संकल्पना सयत "अमृत काळात" प्रवेश केला आनी "विकसीत भारत " म्हूण 2047 मेरेन आस्पावित आनी विकसीत राष्ट्र जावपाच्या दिकेन पावलां मारता. आयच्या ह्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी आमच्या मुलभूत कर्तव्यांक पाळो दिवपाचो सोपूत घेवया आनी जीणेच्या सगळ्या मळार श्रेश्ठताय मेळोवपा खातीर एकवटान प्रयत्न करूया, जेणे करून गोंय प्रगतीच्या मळार सतत वयल्या पांवड्याचेर वाटचाल करीत रावतले, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/705

--
------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.